Panaji regional news at 7.20pm
जोडपी flyover cum

मुरगांव रवींद्र भवन ते MPT gate - 9 मेरेन जोडपी flyover cum cable stayed ROB पुलाचे लोकार्पण केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हाच्या हस्तुकी जाले.सुमार 655 कोटी रूपया खर्च करून ह्या पुलाचे बांधकाम केला अशी म्हायती ह्यावेळार केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हांणी दील्या.

हे शिवाय MES collage junction ते बोगमाळो आनी केणी जंक्शनमेरेनचो फ्लायओव्हर,मडगांव बायपास ते झुवारी अप्रोचीस मेरेनचो चौपदरी रस्तो,नावेली ते कुंकळ्ळी मेरनचो चौपदरी रस्तो ,भेंडेडो ते पोळे चौपदरी रस्तो आनी भोम ते फोंणे चौपदरी रस्त्याच्या कामाचो बुनयादी फातर डीजीटल पद्धतीन बसोवपाची कार्यावळ ह्यावेळार जाली.

ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक, गोंय विधानसभेचे सभापती रमेश तवडकार ,मंत्री मावीन गुदीन्हो मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार तशेंच मंत्रीमंडळातले हेर मंत्री तशेच नामनेचे मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

श्वेत कपिला : 70

गोंयातल्या श्वेत कपिला जातीच्या गाईक अधिकृतपणान देशी गाय म्हूण मान्यताय मेळळ्या.
पोन्ने गोंयच्या शेतकी संशोधन मंडळाचे अधिकारी डॉ. संजयकुमार विठ्ठलराव, हांका ह्या संदर्भातल्या कामाचो मान फावो जाता. नवी दिल्लीत हालीच जाल्ल्या एका कार्यावळीत गोंयच्या देशी जातीच्या श्वेत कपिला गाईक अधिकृत पणान ही मान्यताय मेळळ्या आनी तशें पशु जाती नोंदणी प्रमाणपत्र मेळळा. देशातल्या थळाव्या गोधन जातींचे जतन आनी वळख हाचेखातीर हो म्हत्वाचो पांवडो थारतलो. आता गोयातल्या श्वेत कपिला जातीचे गायचे उपचारिकणान नॅशनल ॲनिमल जेनेटिक रिसोर्सेस डेटाबेस पुस्तकांत दस्तावेजीकरण जाला.

GANESH 250
स्वीस फाउंडेशनाच्या जीकॅमतर्फे गोंय वैजकी म्हाविद्यालयात 50 जाणांच्या हातीचेर दुर्धर शस्त्रक्रीया जातल्यो. शिबीराच्या पयले दिसा सोमारा 4 जाणांचेर

शस्त्रक्रीया जाल्यो. पुराय शिबीरात 50 जाणांचे शस्त्रक्रीया जातल्यो, अशी म्हायती गोंय वैजकी म्हाविद्यालय इस्पितळाचे डीन डॉ. शिवानंद बांदेकार हांणी दिली. डॉ. मार्को लँझेटा बर्तानी (स्वीत्झर्लंड), जीओवन्नी विटले (इटाली), अलेस्ला मोरेथ ह्या तज्ज्ञांनी ह्यो शस्त्रक्रीया केल्या. गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या पलास्टिक सर्जरीचे मुखेली डॉ. युरी डायस आनी हेर दोतोरांनी लेगीत शस्त्रक्रीयेत वाटो घेतलो.

स्वीस फाउंडेशनाच्या जीकॅम सयत गोंय वैजकी म्हाविद्यालयान कबलात केल्या. जीकॅमचे तज्ज्ञ दोतोर गोंय वैजकी म्हाविद्यालयात येवन हातीच्यो दुर्धर शस्त्रक्रीया करतात. गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हॉस्पिटलात जावपी हे दुसरे शिबिर आसा. पयल्या शिबिरात 4 जाणांच्या हातीचेर शस्त्रक्रीया केल्यो. जीकॅम दोतोर गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचे विद्यार्थी तशेच दोतोरांकूय मार्गदर्शन करतात. सध्या जीकॅम दोतोरांचे दुसरे शिबीर सुरू आसा. 25 जानेवारी मेरेन शिबीर चलतले. पयले दिसा जीकॅमच्या दोतोरांनी 60 दुयेतींच्या हातीची तपासणी केली. तपासणी उपरांत 4 जाणांच्या हातीचेर शस्त्रक्रीया केल्यो. मॅलीगनेसी ऑफ हँड, न्युरोफायब्रोमेटोसिस, रीकरंट ड्युपट्रेन कॉन्ट्रॅक्चर हँड हे विशी ह्यो शस्त्रक्रीया आशिल्ल्यो. पुराय शिबिरात आनीक 46 शस्त्रक्रीया करपाचे लक्ष्य आसा. गोंय वैजकी म्हाविद्यालयातले ऑर्थोपेडिक दोतोर सगळ्या प्रकारच्यो शस्त्रक्रीया करतात. तरी 10 टक्के शस्त्रक्रीया ह्यो गोंय वैजकी म्हाविद्यालयातल्या दोतोरां खातीर आव्हान आसता. ह्या शस्त्रक्रीयां खातीर तज्ज्ञांचो सल्लो वा मजत गरजेची आसता. ह्यो दुर्धर शस्त्रक्रीया जीकॅमच्या शिबीरात जाता, अशें डीन डॉ. शिवानंद बांदेकार हांणी सांगलें.

दरवर्सा स्वीस फाउंडेशनाच्या जीकॅमचे दोतोर गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाक भेट दिवन दुर्धर शस्त्रक्रीया करतले. दुयेंती सयत विद्यार्थी तशेच दोतोरांक हाचो लाव जातलो. जीकॅमचे 5 ते 6 दोतोर ह्यो शस्त्रक्रीया करतात. शस्त्रक्रीया केल्ल्या सगळ्या दुयेंतींची भलायकी थीर आसा, अशें प्लास्टीक सर्जरी फाट्याचे मुखेली डॉ. युरी डायस हांणी सांगलें.

SANTOSH 80

मुरगांव पालिका मंडळाच्या आयज जाल्ले बसकेंत आयज सांजवेळा उद्घाटन जावपा आशिल्ल्या लूप - २ हुबत्या पुलाच्या सुवाळ्याचेर सगळ्या पालिका वांगड्यांनी बहिष्कार घालपाचो निर्णय घेतला.

आयची ही बसका नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार हांच्या येजमानके खाला जाली. केंद्रीय येरादारी मंत्री नितीन गडकरी हांचे हस्तुकी ह्या खाशेल्या पुलाचें उक्तावण जावपाचें आसा. हो पुल पालिका वाठारांत उबारिलल्यान वास्को शारांचो पयलो नागरिक म्हूण नगराध्यक्षांक आपोवणें आसपाक जाय आसलें. पुण नगराध्यक्षा सयत एकाय पालिका वांगड्याक आयोवणें नाशिल्ल्यान आयच्या सुवाळ्याचेर बहिष्कार घालपाचो निर्णय आयज सकाळी जालल्या बसकेंत घेतला.

SANTOSH 110

पुराय वास्को मतदार संघान जमनी पोंदाच्यान लायटीचे केबल घालपाचें काम २०२७ मेरेन पुराय जातलें म्हणपाची म्हायती वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणें दिल्या. वास्को शारांतल्या जमनी पोंदच्यान केबल घालपाच्या तिसऱ्या आनी निमण्या पांवड्यावेल्या कामाक सुरुवात केल्या उपरान्त उलयताना ताणें ही म्हायती दिली. शारांतलें काम फुडल्या तीन म्हयन्या भितर पुराय जातलें आनी ह्या कामाचेर वट्ट ६ कोटी रुपया खर्च येवपाचो आसा. वास्को शारांतल्या चडशी उदरगतीची कामां सध्या सुरू आनी थारायल्ल्या वेळार ती पुराय जातली. वास्को मतदार संघातल्या चडशा सुवातांनी जमनी पोंदच्यान केबल घालपाक आडमेळ्यो आशिल्ल्या कारणान फुडल्या दोन वर्सा भितर तें पुराय करपाची मोख दवरल्या. ह्या पुराय प्रकल्पाचेर सुमार १०० कोटी रुपया खर्च येतलो म्हणपाची म्हायती वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणें दिल्या. सांजवेळा साळकार हाणें गरजवंतांक व्हील चेअर भेटयल्यो.

Prasad 200

वीज मंत्री सुधीन ढवळीकर हांणी आयज मडकाई मतदारसंघांत वेगवेगळ्या कामांचें उक्तावण केलें. सकाळीं दोन खांब कवळे हांगा जाल्ल्या कार्यावळींतल्यान रस्त्यांचें हॉट मिक्सिंग कामाची सुरूवात जाली. हातूंत गाळाशीरे ते वेळप मेरेनच्यान राश्ट्रीय म्हामार्ग , दो खंब ते शांतादुर्गा देवूळ कवळे मरेन, रामनाथी ते तळुळे बांदोडा मेरेनच्या रस्त्याचेर डांबरीकरण कमाचो आस्पाव जाता. तसेच आरपीआरएस हायस्कुल वाठरात नव्या 200 केव्हीए ट्रान्सफॉर्मराचें उक्तावण. रामनाथींतल्या श्री रामनाथ देवळा लागसार 200 केव्हीए ट्रान्सफॉर्मराचें उक्तावण, कवळेच्या श्री शांतादुर्गा देवळा लागसार 400 केव्हीए ट्रान्सफॉर्मराचें उक्तावण, आनी कवळेच्या कवळे मठ लागसार नव्या 200 केव्हीए ट्रान्सफॉर्मराचें उक्तावण

जालें. ह्या काऱ्यक्रमांत कवळे जिल्लो पंचायत वांगडी गणपत नायक, कुंडई जिल्लो पंचायत वांगडी दामोदर नायक, कवळे सरपंच मनुजा नायक, बांदोडा पंचायत सरपंच रामचंद्र नायक, वीज खात्याचे कार्यकारी अभियंतो सुधन कुंकळीकार, सहाय्यक अभियंतो केशव गावडे, पंच वांगडी आनी थळावे ग्रामस्थ ग्व्हड प्रमाणांत हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना वीज मंत्री सुधीन ढवलीकार हांणी सांगलें, की 2025 हें वर्स उदरगतीचें वर्स आनी मडकय मतदारसंघांत वेगवेगळे उदरगतीचे काम चालू उरतले. ह्या संदर्भार उलयतना तांणी सांगलें की, मार्च 2025 मेरेन जमनीपोंदा वीज लायनींचें काम पुराय जातलें, आनी ताका लागून जाल्ल्या अडचणींतल्यान लोकांक सुटका मेळटली. भूंयगत वीज कामां खातीर खणून काडिल्ल्या रस्त्यांचें काम चालू आसा आनी फुडल्या काय दिसांनी लोकांक पयलीं भशेन बरे रस्ते आनी सोबीत पक्के रस्ते अणभवपाक मेळटले अशेंय तांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें.

.